*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

**प्रसूतीपूर्व लिंग निदान प्रतिबंद कायद्याचेर प्रशिक्षण कार्यक्रम जालो**

ता. 14 ऑक्टोबर 2019

भलायकी सेवा संचालनालयाच्या राज्य कुटुंब कल्याण मंडळान हांलीच पणजे न्यायालयीन अधिकारी, कायदेविशयक अधिकारी आनी पीसी-पीएनडीटी कायद्याखाला नियुक्त अधिकारीणी आनी नोडल अधिकाऱ्यांखातीर प्रसूतीपूर्व लिंग निदान प्रतिबंद कायद्याचेर प्रशिक्षण कार्यक्रम आयोजीत केल्लो. लिंग भेदभाव, लिंग असमानताय, वारसदार, बायलां आनी चलयांची सुदारणां आनी पीसी-पीएनडीटी कायद्याची अंमलबजावणी अशा विशयांचेर प्रशिक्षण कार्यक्रमात मार्गदर्शन करपात आयले.

भलायकी सचीव श्रीमती निला मोहनन हांणी चली भुरग्याविशीं जावपी भेदभाव ही राष्ट्रीय समस्या आशिल्ल्याचे सांगून ती थांबोवपाची गरज उकतायली आनी उज्वल भविश्याखातीर चली भुरग्याचो सांबाळ करप आमचे प्रत्येकाचे कर्तव्य आशिल्ल्याचे म्हणले. गोंयांत चलो-चली असो भेदभाव ना, पुण शेजारच्या राज्यांनी अश्यों घडणूको जातात आनी त्याखातीर बाळेंतेरा पयली लिंग निदान प्रतिबंद कायद्याविशीं समाजात जागृताय करपाची गरज आसा, अशें भलायकी सचीवानी सांगले.

लिंग भेदभाव समस्येक लागून चले आनी चलयांच्या प्रमाणात असमानताय निर्माण जाता. चलो आनी चली असो भेदभाव करीनासतना दोगाकय समान संद दिवपाची गरज आसा. पालकांनी चली भुरग्याचे आवय-बापूय जावपाक अभिमान बाळगूपाक जाय, अशेंय श्रीमती मोहनन हांणी सांगले.

कार्यक्रमाक उत्तर गोंय जिल्ल्याधिकारी श्रीमती आर. मेनका, भलायकी सेवा संचालक डॉ. जुजे डिसा, मुख्य वैजकीय अधिकारी डॉ. वंदना धुमे आनी हेर अधिकारी हजर आशिल्ले.

श्रीमती अनुजा गुलाठी हांणी पीसी-पीएनडीटी कायद्याचेर जाल्यार जस्टीस शालीनी जोशी हांणी पीसी-पीएनडीटी कायद्याच्या खटल्यांविशीं मार्गदर्शन केले.

पीसी-पीएनडीटी कायद्यो अंमलबजावणी विभागाच्यो अधिकारी श्रीमती पल्लवी काकोडकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले आनी निमणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/696

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA